RAJASHRI KAMAT PRADESHIK KHABRO

3-10-2025 @ 7.20 PM

गोवा विधानसभेचे सभापती डॉ. गणेश गांवकर हे ५ ते १२ ऑक्टोबर २०२५ मरेन ब्रिजटाऊन, बार्बाडोस हांगा जावपी ६८ व्या राष्ट्रकुल संसदीय परिषदेत एक प्रतिष्ठित सदस्य म्हणून गोव्याचे प्रतिनिधित्व करतले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्ली सावन 62 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या तरणाट्यां केंद्रीत वेगवेगळया उपक्रमांचें उक्तावण करतले

जे दुकानात वा आस्थापनात 20 परस चड कर्मचारी आसा, त्या दुकानाक/आस्थापनाक आता 60 दिसां भीतर सरकाराकडेन नोंदणी करप आवश्यक आसा.

कोप्पल कर्नाटकात जाल्या १३ व्या राष्ट्रीय पिनाक सिलट अजिंक्य पद सर्तीत गोय पगडान एकूण १२ पदका जिकली. हातुत 1 भाग्रा २ रुपया आणि 8 कश्या पद्काचो आस्पाव आसा.

DIP 280

गोवा विधानसभेचे सभापती डॉ. गणेश गांवकर हे ५ ते १२ ऑक्टोबर २०२५ मरेन ब्रिजटाऊन, बार्बाडोस हांगा जावपी ६८ व्या राष्ट्रकुल संसदीय परिषदेत लोकसभेचे सभापती ओम बिर्लाच्या फुडारपणाखाला भारतीय संसदीय शिष्टमंडळाचे एक प्रतिष्ठित सदस्य म्हणून गोव्याचे प्रतिनिधित्व करतले. ही परिषद कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशना वरवि आयोजित कर तात.न वार्षिक कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी परिषद म्हणजे सगळयात महत्वाची आंतरराष्ट्रीय माची आसा जी ५६ राष्ट्रकुल देशांमधल्या सभापती, अधिकारी, संसद सदस्य, प्रशासन, लोकशाय, विकास आणि जागतिक सहकार्याच्या प्रमुख मुद्द्यांर चर्चा करपाक एकठाय हाडता. यावरसाची परिषद "कॉमनवेल्थ - एक जागतिक भागीदार" या मध्यवर्ती संकल्पनेर आयोजित केल्या .

परिषदेच्या अजेंडाचा भाग म्हणून, डॉ. गांवकर "हवामान बदल आणि जागतिक भलायकेक ताचो धोको - शाश्वत उपाय सोदप या शीर्षकाच्या कार्यशाळेत सहभागी जातले. दर्या देगेची धूप आणि दर्याच्या पातळीत वाढ, पावसाच्या पद्धतींत बदल आणि उदकापासून उद्भवपी रोगांच्या जोखमींक लागुन गोयाक गंभीर पर्यावरणीय दबावांचो फुडो करचो लागत असताना, डॉ. गांवकर यांच्या सहभागातल्यान लहान किनारी राज्यां नाविन्यपूर्ण धोरणात्मक हस्तक्षेपां सयत कशे फुडारपण करू शकतात, भौशिक भलायकि व्यवस्था मजबूत करू शकतात आणि कायदेविषयक नियोजनात शाश्वतता कशी समाविष्ट करू शकतात हाचेर उजवाड घालपाची अपेक्षा आसा .

गोव्याचे सभापती "लोकशाहीत विश्वास आणि पारदर्शकता निर्माण करप - संसद आणि वेचणुका मदी आर्थिक पारदर्शकता" या कार्यशाळेत सहभागी जातले. डॉ गांवकरची बार्बाडोसमधली उपस्थिती जागतिक गोयातल्या समुदाया खातीर महत्त्वाची आसा.राष्ट्रकुल देशांत गोयकार अशील्ल्यान, सभापतींच्या सहभागान हे कायमस्वरूपी लोकांमधले संबंध मजबूत जातले आणि गतिमान आणि जागतिक स्तरार गुंतलेले राज्य म्हणून गोय ची प्रतिष्ठा बळकट जातली. कॉमनवेल्थ संसदीय परिषदेतल्या सहभागाक लागून गोयाक जागतिक व्यासपीठार आपलो दृष्टिकोन मांडपाची आणि आंतरराष्ट्रीय धोरणात्मक संभाषणांमदी अर्थपूर्ण योगदान दिवपाची संधी मेळता.

कॉमनवेल्थच्या इतिहासात गोव्याला एक विशेष स्थान आसा . १९८२ त कॉमनवेल्थ प्रमुखांच्या सरकार बसकेचे आयोजन केले ही एक ईतिहासिक घटना अशिल्ली जाका लागून कॉमनवेल्थ कुटुंबा वागडा भारताचे राजनैतिक संबंध लक्षणीयरीत्या मजबूत जाले आणि गोयच्या जागतिक आदरातिथ्याचे प्रदर्शन जाले.

मोदी 130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्ली सावन 62 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या तरणाट्यां केंद्रीत वेगवेगळया उपक्रमांचें उक्तावण करतले. तरणाट्यांची कुशळटाय उदरगत करपा खातीर इतिहासीक उपक्रमांत प्रधानमंत्री देशभरांतल्या 1 हजार सरकारी आयटीआयच्या उदरगती खातीर पीएम-सेतू सुरू करतले.तशेंच मोदी बिहारांत सुदारीत मुखामंत्री निश्चय स्वयं सहाय भत्ता येवजण सुरू करतले, जातूंत पाच लाख पदवीधरांक दोन वर्सांखातीर एक हजार रुपया मासिक भत्तो दितले. उद्देग केंद्रीत अभ्यासक्रम आनी वेवसायीक शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर ते बिहारांतल्या जननायक कर्पूरी ठाकुर कौशल्य विद्यापीठाचे उक्तावण करतले. तशेंच बिहारांतल्या चार विद्यापिठांनी नवीन शैक्षणिक आणि

संशोधन सुविधांची बुन्याद घालतले आनी बिहटा हांगा एनआयटी पटनाच्या नवीन कॅम्पसचे लोकार्पण करतले.  मोदी 34 राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या नवोदय विद्यालयांत आनी एकलव्य मॉडेल निवासी शाळांनी स्थापन केल्ल्या 1200 वेवसायीक कुशळटाय प्रयोगशाळांचे उक्तावण करतले. तशेंच प्रधानमंत्री कौशल दीक्षांत समारोहांत आयटीआय टॉपरांक भौमानीत करतले .

शाह 30

राज्यातल्या बेकायदेशीर वा अनियमित घराचो प्रश्न सुटावो करपाक फाल्या डो शामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमात आयोजीत कार्यावळीत घर मंत्री अमित शाह ह्या येवजनेचे अर्ज दिवपाचो शुभारभ करतले. हाचो फायदो सुमार 6 हजार कुटुंबाक जातलो

30

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर आठ टक्क जीडीपी वाडीची आवश्यकताय अधोरेखित  केली . नवी दिल्लींत जाल्ल्या कौटिल्य अर्थीक शिखर सभेच्या उक्तावण सुवाळ्यात  तानी

DIP 125

69व्या राष्ट्रीय शाळा, तायक्वोंडो चॅम्पियनशिप 2025 खेळां सरती खातीर खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय गोंय राज्य पंगड वेचपाक 14 वर्सां सकयल्या भुरग्यां खातीर निवड चांचण्यो करता. निवड चांचण्यो 6 ऑक्टोबर क  सकाळीं 9.30 ते 10.30 मेरेन फोंडा हांगाच्या खेळां संकुलांतल्या इनडोर हॉलांत जातल्यो. ते खातीर प्रभारी पाडूरंग नायक, आनी शैलेश गांवकार, टीएसओ, आसतले.14 वर्सां सकयल्या भुरग्यां खातीर पात्रताय अशी आसा खेळगडे 01/01/2012 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मले जाय आनी 17 वर्सां सकयल्या चले/चलयां खातीर पात्रताय म्हणल्यार खेळगडे 01/01/2009 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मले जाय. वेंचून काडिल्ल्या खेळगड्यांक पात्रताय फॉर्मा वांगडा दोतोरा कडल्यान पिराय सत्यापन चांचणी (एव्हीटी) प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें. अंडर-17 चले/चलया खातीर सर्त 15 ते

21 ऑक्टोबर 2025 मेरेन अरुणाचल प्रदेशांत आनी तायक्वोंडो अंडर-14 चले 28 ते 30 ऑक्टोबर 2025 मेरेन नागालँडांतल्या कोहिमा शारांत जातली.

100

जे दुकानात वा आस्थापनात 20 परस चड कर्मचारी आसा, त्या दुकानाक/आस्थापनाक आता 60 दिसां भीतर सरकाराकडेन नोंदणी करप आवश्यक आसा. नोंदणी केली ना जाल्यार उण्यात उणो 10 हजार रूपया दंड जातलो. गोंय दुकाना/आस्थापना नोंदणी कायद्याची अधिसूचोवणी सरकारान जारी केल्या. पावसाळी अधिवेशनात दुकान/आस्थापनांची नोंदणी सक्तीची करपी गोंय दुकाना/आस्थापना नोंदणी विधेयक संमत जाल्ले. राज्यपालांच्या मान्यताये उपरांत कायद्याची अधिसूचोवणी जारी जाल्या. दुकान/आस्थापन स्थापन जाले उपरांत धनयाचे नाव, पत्तो ही सगळी म्हायती दिवन कामगार खात्याकडेन नोंदणी करपी आवश्यक आसा. नोंदणी केली ना जाल्यार 10 हजाराचो दंड जातलो.कामगाराक दिसाक 8 वरां परस चड वा सप्तकात 48 वरां परस चड काम करचे पडले जाल्यार ताका ओवर टायम दिवप बंधनकारक आसपासयत तरेकवार तजवीजो कायद्यात आसा.

90

पर्पल महोत्सवाची सुरवात ९ ऑक्टोबर सावन जावून महोत्सव १२ ऑक्टोबर मेरेन चलतलो. दिव्यांग खेळगड्यांक आपलो खेळ आनी आपली कला सादर करपाक मेळची ह्या खातीर या पर्पल महोत्सवात जायत्यो कार्यावळी घोशीत जाल्यात. ओंदुचो पर्पल महोत्सव एकवोटीत राष्ट्रसंघाच्या आदारान जाता. ह्या महोत्सवान आता देशाची शिम हुपल्या अशें महोत्सव आयोजकांनी सांगलां. पयलेच फावट शारीरिक दृष्ट्या दिव्यांग मनशां खातीर या महोत्सवात वेगवेगळया खेळ प्रकारांचो आसपाव केला. हांतुत स्कुबा डायविंग, पॅरासेलिंग अशा खेळांचो आसपाव आसा .पर्पल महोत्सवात दिव्यांग मनशां खातीर गरज ते तंत्रज्ञान तशेंच तंत्रज्ञानाचेर आधारीत येरादारी वेवस्था तशेंच वेगवेगळयो सोई सुविधा उपलब्ध करून दितले अशें आयोजकांनी सांगलां.

90

कर्मचारी भरती आयोगान एलडीसीच्या 215 पदां खातीर उमेदवारांची निवड केल्या. कर्मचारी भरती आयोगा वरवीं निवड जाल्लो खंयचो एलडीसी खंयच्या खात्यांत रुजू

जातले हाची वळेरी जाहीर जाल्या. ही वळेरी कर्मचारी भरती आयोगाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. 215 एलडीसींची 32 वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी नेमणूक केल्या. आयोगान भरती खातीर 13 डिसेंबर 2024 दिसा जायरात दिल्ली. सीबीटी परिक्षे उपरांत शालांत मंडळा वरवीं कुशळटाय चांचणी जाली. कुशळटाय चाचणी उपरांत दोन दिसांत सगळी प्रक्रिया पुराय जाल्या.

Dip 50

पोरन्या गोंयच्या फेरी रॅम्पाची दुरुस्ती वेळार, पोरन्या गोंयच्या मार्गाचेर फेरी सेवा 06 ऑक्टोबर ते 19 नोव्हेंबर 2025 मेरेन बंद आसतली अशें बेतीचा न्हंय येरादारी खात्यान भौसांक कळीत केला. वयल्या काळांत वेळापत्रका प्रमाण सेंट पेद्रू-दिवार मार्गाचेर चार फेरीबोटी तैनात करतले.न्हंय येरादारी खात्यान फेरी सेवा सुरळीत उरपाक भौसाक सहकार्य दिवपाची विनंती केल्या.

स्पोर्ट्स 45
कोप्पल कर्नाटकात जाल्या १३ व्या राष्ट्रीय पिनाक सिलट अजिंक्य पद सर्तीत गोय पगडान एकूण १२ पदका जिकली. हातुत 1 भाग्रा २ रुपया आणि 8 कश्या पद्काचो आस्पाव आसा. गार्डियन एनजल स्पोर्ट्स क्लबान गोवा प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीत बिदेश इलेव्हनाचेर वर्चस्व राखताना 3 आड 0 फरकान जैत मेळयले.

हवामान 80
पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला. राज्यात फाटल्या काय दिसा सावन पावसाची तीव्रता कमी जाल्या . फाटल्या २४ वरात राज्यात सरासरी 15. ७ मी मी पावस पडला आणि मुखावेल्या पाच दिसात शिपडून पावस पडपाची शक्यता वेधशाळेन उक्ताय्ल्या